Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 27th dec 2025

Veer bal diwas Rashmi 69

सिख समाजाच्या वीर बाल दीसाच्या फांटभुयेर भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हांणी शहिद फतेह सिंग आनी जोरावर सिंग हांका पर्वरे बेती गुरुव्दारात वचुन आर्गा ओपली. 10 व्या गुरू गोविंद सिंग हांचे ह्या दोनुय धाडसी पुतानी धर्मवाद आनी धर्मांतरण आडोवपाच्या नदरेतल्यान देल्ले बलीदान महत्वाचो आसा अशे ह्यावेळार दामोदर नायक हांणी म्हळा. तांचे हे राष्ट्रप्रेम आयच्या पिळगेक पासून देख दीवपी आसा अशे ह्यावेळार दामोदर नायक हांणी म्हणला.

subhash 60

काणकोणच्या शिक्षणीक उदरगतीची मोख दवरून बलराम शिक्षण संस्थेसारख्यो संस्था अविरत काम करतात अशे कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हांणी सांगला. ह्या संस्थेच्या वर्सुकी स्नेह संमेलनात मुखेल सोयरे म्हूण ते काल उलयताले. शिक्षणीक मोख गाठटाना विद्यार्थ्यांनी स्पर्धात्मक परीक्षांची वाट धरची आनी यश जोडचे असो तांणी उलो मारलो. बलराम शिक्षण संस्थेन जेईई तशेंच नीट परीक्षेचे कोचिंग सुरू केलां अशें तांणी सांगले.(बायट - रमेश तवडकर )

GANESH 117

घुंवळी वखदा आड जागृताय वा ताचे आड लडो दिवप ही खंयच्या एका संस्थेची जापसालदारी न्हय, जाल्यार ती एक सामूहिक जापसालदारी आसा, अशें सरन्यायाधीश सूर्य कांत हांणी सांगलें. पर्वरी हांगाच्या उच्च न्यायालयाच्या इमारतीत घुंवळी वखदा आड जागृताय मोहिमेच्या उक्तावण कार्यावळींत ते उलयताले.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हेर न्यायाधीश आनी आदोवोगाद कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.भारताचो फुडार हो तरणाट्यांचेर निंबून आसा. घुंवळी

वखदांचे वेव्हार आनी वेसना पसून तरणाट्यांनी पयस रावपाक जाय, अशें सरन्यायाधीशांनी म्हणले. घुंवळी वखदांक लागून कुटुंबा सयत समाज नश्ट जावपाची भिरांत आसता. तरणाटे हो गोंयचो फुडार आशिल्यान घुंवळी वखदा आड झिरो टोलरन्स हे सरकाराचे धोरण आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणान कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. कार्यावळीक न्यायाधीश तशेच आदोवगाद हाजीर आशिल्ले.

RASHMI 134

पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांच्य फुडारपणाखाला आयज गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्यान आयज शिरोडेच्या गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालय आनी संशोधन केंद्र हांचे कडेन आर्युवेदा आनी योगा वरवी वेलनेस परर्यटनाक उर्बा दिवपाक  आयज पर्यटन बावनात कबलात केल्या.डिजिटल प्लॅटफॉर्म आनी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मंचाचेर वेलनेस र्यटनाविंशी खासा पॅकेजिसाची जायरात  पर्यटन खाते करतले.तशेंच  पर्यटनावांगडाच आयुर्वेद आनी योग केंद्रां सयत निरोगीपण पर्यटन मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास, आयुश म्हायती कोशिका तयार करप, प्रचार साहित्याची उदरगत, प्रशिक्षण, संशोधन, करपाचे काम ह्य कबलातीवरवी जातले अशी म्हायती ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

RASHMI 95

कझाकस्तानांतल्या आल्माटी सांवन फ्लाय एरिस्तान कंपनीन चलयल्ली 174 प्रवाशांची पयली हंगामी चार्टर विमान शुक्रारा सकाळीं मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पावले.आंतरराश्ट्रीय हवाई जोडणी घटमूट करप हो गोंयच्या पर्यटन उदरगती खातीर एक मुखेल लक्ष केंद्रीत क्षेत्र थरला अशे मत ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांमी व्यक्त केला. नव्या स्रोत बाजारपेठेक गुंतून आनी हंगामी सनदी कार्यावळींक आदार दिवन गोंयान नियोजीत आनी टिकावू पद्दतीन संवसारीक पांवड्यार पावपाचो विस्तार चालू दवरला. आंतरराष्ट्रीय  पर्यटकांचो विस्वास विस्वास आनी तेच बरोबर दर्जेदार पर्यटकांक आकर्शीत करपाच्या

नदरेतल्यान समतोल आनी समावेशक पर्यटन वाड सुनिश्चीत करपाच्या दिखेन पर्यटन खाते काम करता अशे ह्यावेळार रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

SPORTS

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं तिरुवनंतपुरमांत जाल्ल्या तिसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकाक आठ विकेटींनी हारयलो

WEATHER

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत तापमान बत्तीस सेल्सिअस नोंद जाला तर 18 सेल्सिअस नोंद जाला..